**<u>कला आनी संस्कृती खात्याचे युवा सृजन पुरस्कांर जाहीर</u>**

ता. 23 नोव्हेंबर 2023

गोंय सरकाराच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयांन 2023-24 वर्सा खातीरचे राज्य युवा सृजन पुरस्कांर (नवसर्जन –चेतना पुरस्कार) जाहीर केल्यात. कला आनी साहित्याच्या मळार उत्कृश्ट योगदान दिल्ल्या 6 युवा कलाकारांची ह्या पुरस्कारांखातीर निवड केल्या.

2023-24 च्या युवा सृजन पुरस्काराखातीर श्रीमती निवेदीता उल्हास चंद्रोजी, पेडणे (नाटक), संजय वसंत कुर्टीकर, फोंडे (लोककला), दशरथ नारायण नाईक, पेडणे (संगीत), श्रीमती अन्वेषा अरूण सिंगबाळ, फोंडे (साहित्य), अनंत श्रीधर कामत बांबोळकर, फोंडे (चित्रकला/नाटक) आनी श्रीमती वेलेंसी कार्मेलीन डिसोझा, बार्देस (तियात्र) हांची निवड जाल्या.

रोख 25,000/- रूपया, प्रशस्तीपत्र आनी यादस्तीक अशें पुरस्काराचे स्वरूप आसा. पुरस्कार वितरणाची तारीख उपरांत कळयतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/907

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan, Panaji – Goa.